AKASHVANI PANAJI
REGIONAL NEWS

7.20 PM 15TH JAN 2025

RASHMI 165

कुंकळे उद्देगिक वसणुकेत आशिल्लया फीश मिल प्रकल्पाखातीर उदेदगिक वाठारात प्रदुशण जाता. ह्या मिलातले रसायनांचो सामको विल्हो ना केल्यान उद्देग वसणुकेच्या आसी कुशीक आशिल्लया वाठारातल्या उदकाची स्त्रोता पेडयार जाता अशे विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले पावसाळी विधानसबा धिवेशनावेलार लेगीत आपणे हो विशय सबाघराच्य नदरेक हाडुन दिल्लो. मात हो प्रस्न आजुन मेरेन सुटावो जावंक ना. असाच पध्दतीची आनीक एक फीश मिल हाडपाचे प्रस्ताव सध्या सुरु आसा. ह्या प्रकल्पाक कुंकळी काराचो सामको विरोध आसा, फीश मिल सारक्या सैमाक इबाडपी , आनी थलाव्या लोकांच्या भवलायकेचे प्रस्न उप्राशीत करपी उदेदगाची कुंकळकारांक गरज ना. आमका असले प्रकल्प नाका अशे युरी आलेमाव हांणी म्हणला. शुन्य वराक युरी आलेमाव उलयतालो. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हो प्रस्न सुटावो करपाचे आस्वासन दिला.

RASHMI 200 CARNIVAL

गोंयांतलो कार्नावल महोत्सव हो आंतरराश्ट्रीय मळावेलो नामनेचो महोत्सव , मात ह्या महोत्सवात फ्लोट करपी कलाकार सध्या कमी मोलाचे बक्षीस मेळिल्लयान निरशेल्यात अशे कुडचडेचे आमदार निलेश काब्राल हांणी शुन्य वराक सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.फाटल्या १० वर्सात बक्षीसा दरम्यान दितता त्य पैशात वाड जांवक ना, ही वाड जावप गरजेचे , ताका लागुन पर्यटन खात्यान बक्षीसाच्या मोलात वाड करची अशी मागणी निलेश काब्राल हांणी केला. तांच्या ह्या मागणेक केपेचे आमदार एल्टन डीकोस्टा हांणी लेगीत तेको दिलो.BYTE मजगती बक्षीसाचे मोल पर्यटन काते वा सराकरा थारयना, पर्यटन खाते ह्या महोत्सवाचे आयोजन करपी कार्नावल समितीक एकरकमी पयशे दिता उपरांत समिती बक्षीसाचे मोल कितले आसचे ते थारयता. अंदु वर्साच्या कार्वाल पैशात सराकरान १ लाक रुपयाची वाड केल्या . तशेंच कार्नावल समिती

सराकरारी निधीसयत हेर खासजगी  देणगी च्य माध्यमातल्यान ह्या महोत्सवाचे आयोजन करता अशी म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिली.  BYTE गोंयात १३ -१७  फेब्रुवारी ह्या काळात  अंदु  कार्नावल महोत्सवाचे आयोजन  जाता. ते खातीर  सरकरान कमीत  कमी ३ लाख  रुपायची तरी वाड करची अशी मागमी ह्यावेळार  दोन्हुय  आमदारांनी पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांचेकडेन केल्या.

RASHMI 200 O HR

गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारात खेत्यांनी पिकावळीचे लुकसाण करपाचे प्रमाण वाडला. कास  करुन  नाल,  सुपारी,  केळी,  तशेंच  हेर  पिकावळीचे  खेती  व्हडा प्रमाणात  लुकसाण करता हो प्रस्न सुटावो करपाक शेतकी खात्यान जाता तितल्या बेगीन यत्ज्ञ करचे. महत्वाचे म्हणल्यार ह हे करतना इलेक्ट्रीक  फेन्सिंग, तशेंच  पिकावळीक  जनावारापासत  वाचोवपी  हेर  यंत्रणा  , सुविदा  शेतकारांखातीर शेतकी खात्यान उपलब्ध करुन दिवची अशी मागणी दिवचलचे आमदार दोतोर चंद्रकांत शेट्ये हांणी शुन्य वराक  केला. हो प्रस्न सुटावो करपाचे  आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.जाल्यार  वास्कोचे आमदार  कृश्णा साळकार हांणी राखीव पुलिस दळात  काम करपी  पुलिसांक, प्रशिक्षित करुन ज्या -ज्या पुलिस स्टेशनाचेंर पुलिस कर्मचाऱ्यांचो उणाव आसा  थंय आसपावन घेवचे अशी  मागणी केल्या. ह्यानपयली लेगीत सरकारान असा पध्दतीन होमगार्ड आनी आय.आर. बी पुलिशेक  पुलिस स्टेशनांनी आसपावन घेतल्यात अशे कृश्णा साळकार हांणी म्हणला.नुवेचे  आमदार  उल्हास  नायक  तुयेकार  हांणी  आख्ख्या सासश्टी  म्हालाक  ,  म्हणल्यारुच  ह्या  म्हालात  येवपी सात  मतदारसंघाखातीर  फकत एकुच फायर  ब्रीगेड  आसा . आपतकालीन वेळार  फायर ब्रीगेडीखातीर फोन केलो जाल्यार ती उपलब्ध आसना, खास करुन पावसाच्या  दिसांनी  झाडा  पडल्या  उपरातं  वा  हेर  आपत्कालीन  वेळार ही  फायर  ब्रीगेड मेळना. सात मतदासंगाखातीर एक उजो पलोवपी दळाचे एक कार्यालय उणे पडटा. ताका लागुन आनीक एक उजो पालोवपी दळाचे कार्याल सासश्टी  म्हालात  स्थापन करचे अशी मागणी आमदार उल्हास नायक तुयेकार हांणी  केला.

SIR

मरणाची नोंद जाली काय रजिस्ट्राराक फॉर्म ७ भरून तो जिल्होधिकारी तशेच जिल्हो वेंचणूक यंत्रणेक सादर करप बंदनकारक जातलें. हाका लागून मरणा उपरांत संबंदीत मतदाराचे नाव रोकडेच मतदार वळेरीतल्यान काडून ओडोयतले. हाका लागून मरणा उपरांत एकाय मतदाराचे नाव मतदार वळेरीत उरचें ना, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.राज्यात सध्या एसआयआर मोहीम सुरू आसा. मतदाराची नावा काडून ओडोवपाची प्रक्रीया सोपी करची अशी मागणी करपी लक्षवेधी सूचोवणी आमदार संकल्प आमोणकार हांणी मांडिल्ली, हाचेर सभाघरात बरोच तेप चर्चा जाली. आमदार विजय सरदेसाय, निलेश काब्राल, विरेश बोरकार, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव हांची भाशणा जाली.हयात नाशिल्या मतदारांची नावा काडून मतदार वळेरी नव्यान करपाची प्रक्रीया योग्य तरेन सुरू आसा. गोंयांत १०० टक्के मतदारांनी एसआयआरचे अर्ज भरून सादर केल्या, मतदार वळेरीतली नावा काडून ओडोपाविशीची प्रक्रीया आयोगान वेळोवेळी स्पश्ट केल्या. खातीर खासा प्रक्रीयेची कार्यवाय जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

JAN

राष्ट्रीय ई पुस्तकालय डिजीटल वाचनालयाचो लाव राज्यातल्या सगळ्या शाळांनी घेवचो अशें गोवा माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळान मांगलां.
राष्ट्रीय ई पुस्तकालय वाचनालयात साडे पांच हजार डिजीटल पुस्तकां आसात. २०० प्रकाशकांनी प्रकाशीत केल्ली , २३ वेगवेगळ्या भासांनी ही पुस्तकां उपलब्ध आसात. ३ ते ८ , ८ ते ११ , ११ ते १४ आनी १४ वर्सा पिराये वयल्या वेगवेगळ्या पिराय गटा खातीर आशिल्या ह्या पुस्तकांचो वापर राज्यातल्या विद्यार्थ्यांनी करचो अशें आवाहन गोवा बोर्डान केला

RASHMI

उत्तर गोंय जिल्हा हॉस्पिटल, दक्षीण गोंय जिल्हो हॉस्पिटल, तशेच हेर मुळावी भलायकी केंद्रा तांचेकडेन दोतोराचो उणाव तशेंच भलायकेचे उपचार दिवपाक गरजेची माखनां नाशिल्लया कारणान ही हॉस्पिटला दुयेतींक थेट गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय हॉस्पिटलाकडे रेफरल दिंवन वळयतात, हाका लागुन

गोमेकॉचेर ताण आयला. तशेंच दुयेतींचो आकडो हांग वाडील्लया कारणान गोमेकॉचे खाटो, आयसीयु, तशेंच हेर आवश्यक भलाकीच्यो सुविधा उण्यो पडपाक लागल्या अशे विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी विधानसभा कामकाजाच्या प्रस्नेतराच्या वराक भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांका केल्लो. BYTE

हयावेळार भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दोतोरांचो उणाव आसा ही बाब मान्य केली. काय दुयेसांच्या स्पेशलिस्ट दोतोराक मेळोवपाक भलायकी खाते काम करता, मात खासगी हॉस्पिटलात प्रेक्टीस करपी हॉस्पिटलातले दोतोर गोमेकॉत सेवा दिवपाक चड मानधन मागता, , तशेच कामाचो ताण, कमी पयशए हाचेखातीर काय वेळार दोतोर गोमेकांत काम करपाक सोदिनात अशे भलायीक मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिली.

DIP

१६ जानेवारी हो ओपिनीयन पोल दीस राज्यभर अस्मिताय दीस म्हूण मनोवचो अशें राज्य सरकारान जाहीर केलां. हया निमतान सगळ्या सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमिक शाळांनी हया दिसा गोंयचे सांस्कृतिक दायज दाखोवपी कार्यावळी आंखच्यो अशें शिक्षण संचालनालयान मागलां. भाशणां , चर्चासत्रां , गीत गायन , वादविवाद अशा वेगवेगळ्या कार्यावळींचो तांतून आसपाव आंसू येता अशे शिक्षण संचालनालयान उजवाडायल्या परिपत्रकांत म्हळां.

RASHMI

गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारात खेत्यांनी पिकावळीचे लुकसाण करपाचे प्रमाण वाडला. कास करुन नाल, सुपारी, केळी, तशेंच हेर पिकावळीचे खेती व्हडा प्रमाणात लुकसाण करता हो प्रस्न सुटावो करपाक शेतकी खात्यान जाता तितल्या बेगीन यत्त्ज्ञ करचे. महत्वाचे म्हणल्यार ह हे करतना इलेक्ट्रीक फेन्सिंग, तशेंच पिकावळीक जनावारापासत वाचोवपी हेर यंत्रणा , सुविदा शेतकारांखातीर शेतकी खात्यान उपलब्ध करुन दिवची अशी मागणी दिवचलचे आमदार दोतोर चंद्रकांत शेट्ये हांणी शुन्य वराक केला. हो प्रस्न सुटावो करपाचे आस्वासन हयावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.

जाल्यार वास्कोचे आमदार कृश्णा साळकार हांणी राखीव पुलिस दळात काम करपी पुलिसांक, प्रशिक्षित करुन ज्या -ज्या पुलिस स्टेशनाचेंर पुलिस कर्मचाऱ्यांचो उणाव आसा थंय आसपावन घेवचे अशी मागणी केल्या. सात मतदासंगाखातीर एक उजो पलोवपी दळाचे एक कार्यालय उणे पडटा. ताका लागुन आनीक एक उजो पालोवपी दळाचे कार्याल सासश्टी म्हालात स्थापन करचे अशी मागणी आमदार उल्हास नायक तुयेकार हांणी केला.

हवामान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 32.4औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान 21.4 औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

SPORTS

गोआ क्रीडा आणि युवा व्यवहार संचालनालय हानी आयोजित केलेल्या फोंडा तालुका ऍथलेटिक मेळाव्यात गणनेच्या महात्मा गांधी सेंटणारी स्कूलने १४ आणि १७ वारसा पिराये स्किलल्या चला चाळियांचो गटात वस्तादपण मेळयलें